# उदकाचो योग्य तरेन वापर करचो- भौशीक बांदकाममंत्री

ता. 28 नाव्हेंबर 2017

7 मार्गशीष 1939

लोकांनी उदकाचो योग्य तरेन वापर करपाची गरज आसा. रात्यातल्या प्रत्येक घराक उदक साठोवन दवरपाखातीर उदकाची टाकी दिवपाचो सरकाराचो विचार आसा, अशें भौशीक बांदकाममंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर हांणी काल कार्रे-सुकूर हांगा भौशीक बांदकाम खात्यान बांदलेल्या 650 क्यू. मीटर ओएचआर आनी 300 क्यू. मीटर जीएलआर उदका टाकयेचे उक्तावण केले उपरांत आयोजीत कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

म्हायती तंत्रज्ञानमंत्री श्री. रोहन खंवटे जिल्हा पंचायत वांगडी श्रीमती वैशाली सातार्डेकर, सुकूरचे सरपंच श्री. संदीप वजरकर, पेन्ह द फ्रान्सचे जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. गुपेश नाईक, साल्वादोर मुंदचे सरपंच श्री. संदीप साळगांवकर, पेन्ह द फ्रान्सचे सरपंच श्री. स्वप्नील चोडणकर, हेर पंच वांगडी आनी भौशीक बांदकाम खात्याचे अधिकारी कार्यक्रमाक हजर आशिल्लें.

ह्या उदका टाकयेतल्या उदकान सुकूर गांवच्या लोकांची उदकाची गरज भागतली. पूण लोकांनी उदकाची नाशाडी आनी गैरवापर करपाचे टाळपाक जाय, अशेंय श्री. ढवळीकर हांणी सांगले. गोंयात अनेक वाठारांत उदका प्रक्रिया प्रकल्प उबारून प्रत्येक घराक चोवीस वरां उदका पूरवण करपाची येवजण रोखडीच पूर्ण जातली. गोंयात सिव्हेज, राष्ट्रीय महामार्ग, उदका पूरवण येवजणेच्या कामांखातीर सूमार 50,000 कोटी खर्च केल्यात, अशें तांणी सांगलें.

श्री. खंवटे हांणी ह्या उदकाच्या टाकयेक लागून कार्रे, वाडे, गावसवाडा, मायणा आनी सरभोवतणच्या वाठारांतल्या लोकांची उदकाची समस्या सूटपाक मदत जातलीं अशें सांगलें.

सुकूर आनी ओ-कोकेरो जक्शनाचेर आनीक दोन उदकाच्यो टाकयो बांदपाची सरकाराची येवजण आसा आनी हे काम पूर्ण जालें उपरांत ह्या वाठारातल्या उदकाची समस्या सूट्टली, अशेंय तांणी सांगलें.

ओलो आनी सुको कोयर एकटाय करपाखातीर सुकूर वाठारांतल्या प्रत्येक घराक दोन डस्टबीन्स दितलें. लोकांनी ह्या डस्टबीनाचो योग्य वापर करून कोयर वेवस्थापनाच्या कामाक सहकार्य करचे आनी आपलो वाठार नितळ दवरचो, अशेंय श्री. खंवटे हांणी सांगलें.

श्रीमती वैशाली सातार्डेकर हांचेय ह्या वेळार उलवप जालें.

श्री. संदीप वजरकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो तर विजयानंद राऊत हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.